Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 25th November 2025

Rashmi ९५

सहित स्टुडीयो वतीन निर्मित घर ह्या कोंकमी लघुपटाचे स्क्रिनिंग आयज इफ्पीच्य गोवा विभागावरवी जाले. ह्यानपयली सहित स्टुडियो वतीन पाच सिनेमा इफ्फीत दाखयल्यात. जाल्यार अंदुचो घर हो विंशय घर म्हणजे फकत चार वणटीची वास्तु न्ही जाल्यार मनसापासत जीव आशिल्ले घर कशे आसता त्य विशयाचेर भाश्य करता. ह्या सिनेमात मुखेल भुमिकेत रावी किशोर, तशेचं रोहित खांडेकार हांणी भुमिका साकारल्यात, जाल्यार किशोर अर्जुन हांणी ह्या लघुपटाचे दिग्दर्शन केला. Byte- kishor arjun सिनेमात बाल कलाकार शार्दुल बोरकार, विकास कासलीवाल हांणी भुमिका साकारल्यात.रवींद्र येमपाडा हांणी ह्या नेमाखातीर सिनेमेटोग्रापी केल्या जाल्यार नामनेचे गायक सिंधुराज कामत हांणी ह्या सिनेमाक खातीर पाश्वसंगीत गायला. सिनामाचे पुराय चित्रीकरण गोंयात जाला.

माज्गती भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या दर एक दिसा नवे विचार, म्हत्वाचे निर्णय, आनी संवसारीक सहकार्याची संद निर्माण करपाक लागल्या. आंतरराष्ट्रीय सर्ती, सांस्कृतीक प्रदर्शनां, मास्टरक्लास, खाशेले श्रद्धांजली आनी उर्बेभरीत वेव्स फिल्म वेव्स फिल्म बाजार हांचो आस्पाव आसा.

५० रश्मी

आयज सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या पयल्या नोव्हेनात गोंय तशेच भोव्तं च्या राज्यांतल्या शेंकड्यांनी भक्तांनीउर्बे उमदिन वांटो घेतलो. ह्यावेळार फादर मायरन बारेटो हांणी नोव्हेनावीशी चड म्हायती दीली.

नोव्हेनाची मिसा सकाळीं आनी सांजवेळां आसतलीं. णव दीसाच्या ही मिसा बंदखणीतल्या कैद्याखातीर प्रार्थना तशेंच मनीस स्वत जीणेतल्या ज्या वेगवगळ्या बंधनात अडकला तातुन देवान मार्ग दागोवचो हया संकल्पनेचेर निंबुन आसा.

RAJESH 70

सगळ्यां दिवचलकारांची ग्रामदेवता श्री शांतादुर्गा देवीचो वर्सुकी नवो सोमार उत्सव आयज  24 नोवेंबर दीस  विंगड विंगड धार्मिक आणि सांस्कृतिक कार्यावळीनी साजरो जाता. हे निमतान गावकरवाडो  हांगसर ग्रामस्थ गावकर मंडळी तशेच बाजारकार मंडळींच्या वतीन विगड विंगड धार्मिक, सांस्कृतिक कार्यावळींचें आयोजन केला . देवी शांतादुर्गा देवीची पालखी दिवचलच्या दरेक घरांक भेट दीतली.  नवो सोमाराच्या निमित्तान युवा गायक कलाकार राजयोग धुरी आनी हेर गायक कलाकारांच्या गायनाची मैफल जातली. फाल्या 25 नोवेंबर दीस  उत्सवाची सांगता जातली.

manipur

दुसऱ्या म्हाझुजाच्या काळांत कोहिमा आनी इम्फाल हांगा जाल्ल्या झुजांचें चित्रण करपी मणिपुरी डॉक्युमेंटरी “बॅटलफील्ड” हांचो संवसारीक प्रीमियर भारताच्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत भारतीय पॅनोरमा विभागांत जालो . हो  20 ते 28 नोव्हेंबर मेरेन गोंयांत चालतलो .

SIR

गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान स्पेशल इंटेन्सिव्ह रिव्हिजन एसआयआर मोहिमे खाला प्रगतीची म्हायती दिल्या. काल सांजवेळा 4:00 वरां मेरेन वट्ट 8,81,657 गणना फॉर्म एकठांय करून डिजिटल केल्यात. राज्यांतल्या वट्ट 11,85,034 नोंदणीकृत मतदारांतले 74.40 टक्के मतदार आसात.

ST 98 GANESH

अधीसूचोवणी दुरूस्ती जिल्हा पंचायत वेंचणुकेच्या आरक्षणात किरकोळ बदल करताना राज्य वेंचणूक आयोगान दक्षिणेचो राय मतदारसंघ आता बायलां अनुसूचीत जमाती खातीर (एसटी) राखीव केला. पयलीच्या आरक्षणात हो मतदारसंघ फकत अनुसूचीत जमाती खातीर राखीव आशिल्लो. आरक्षणाक उच्च न्यायालयात आव्हान दिवपाच्या फांटभूयेर राज्य वेंचणूक आयोगान हो बदलकेला.

हवामान40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३३ सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान ३३ सेल्सिअस नोंद जाला.

sports

पांचवे खेळो इंडिया विद्यापीठ खेळक  आयज राजस्थानांत सुरूवात जाली . देशभरांतल्या 230 विद्यापिठांतले सुमार पांच हजार विद्यार्थी-खेळगडे ह्या खेळां सर्तींत वांटो घेतात.